# राष्ट्रपती वेंचणूक मतदान साहित्य गोंयांत पावले
## *18 जुलयाक वेंचणूक*

ता. 13 जुलय 2022

भारताच्या राष्ट्रपती वेंचणूकेखातीर मतपेटी आनी हेर मतदान साहित्य काल गोंयांत पावले. जोड मुखेल वेंचणूक अधिकारी आनी राष्ट्रपती वेंचणूकेखातीरचे नोडल अधिकारी श्रीमती आयशा वायंगणकर आनी गोंय राज्याखातीरचे पालवी वेंचणूक अधिकारी श्री हर्क्युलस नोरोन्हा हांणी वेंचणूकेचे सामान गोंयांत हाडले आनी हे सामान गोंय विधानसभा संकुलात स्ट्राँग रूमात दवरला.

भारताचे राष्ट्रपती श्री रामनाथ कोविंद हांचो कार्यकाळ 24 जुलय 2022 दिसा सोपतलो.

देशातले सर्वोच्च निर्वाचन पद आशिल्ल्या भारताच्या राष्ट्रपतींच्या कार्यालयाची वेंचणूक मुक्त आनी निष्पक्षपणान घेवपा खातीर वेंचणूक आयोगान आपली घटनात्मक जबाबदारी पार पाडपाखातीर आवश्यक आशिल्ली सगळीं पावला उबारल्यात.

भारतीय वेंचणूक आयोगान 18 जुलयाक जावपी राष्ट्रपती वेंचणूकेखातीर राज्य विधानसभा सचिवालयांसयत दिल्ली आनी पुद्दुचेरी ह्या केंद्रशासीत प्रदेशांक मतपेट्यो, मतपत्रिका, विशेश पेन आनी हेर सीलबंद वेंचणूक साहित्य काल वितरीत केले. मुखेल वेंचणूक आयुक्त श्री राजीव कुमार आनी वेंचणूक आयुक्त श्री अनूप चंद्र पांडे हांच्या देखरेखीखाला राज्यां/केंद्रशासीत प्रदेशांक वेंचणूक साहित्य वितरीत केले.

भारतीय राज्यघटनेच्या कलम 54 प्रमाण राष्ट्रपतींची निवड इलेक्टोरल कॉलेज वांगड्यावतीन करतात, जातूंत संसदेच्या दोनीय सभाघरांचे वेंचून आयिल्ले वांगडी, सगळ्यां राज्यांच्या विधानसभेचेर वेंचून आयिल्ले वांगडी आनी केंद्रशासीत प्रदेश विधानसभेचेर वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यांचो आसपाव आसता.

मुखेल वेंचणूक आयुक्त श्री राजीव कुमार हांणी वेंचणूक मुक्त वातावरणात आनी सुरळीतपणान घेवपाखातीर वेंचणूक कार्यपद्दतीक कडक पाळो दिवप, मतदानापयली आनी मतदान जाले उपरांत वेंचणूकेचे सामान सुरक्षीत रूमात दवरप आनी हेर प्रोटोकॉल आनी मार्गदर्शक तत्त्वांक पाळो दिवपा बाबतीत वेंचणूक अधिकाऱ्यांक मार्गदर्शन केले.

वेंचणूक मुक्त आनी निष्पक्षपणान घेवपा खातीर वेंचणूक आयोगान नियुक्त केल्ले निरिक्षक मतपेटयो आनी वेंचणूक सामानाची सुरक्षा आनी येरादारीखातीरच्या

**वेवस्थेचेर देखरेख दवरतले. तशेंच संसद सभाघरांत 21 जुलयाक मतमेजणी  प्रक्रियेचेर देखरेख दवरपा खातीर वेंचणूक निरिक्षकांची नेमणूक केल्या.**

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/460

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji